# राष्ट्रीय हातमाग दीस मनयलो

ता. 8 ऑगस्ट 2023

हस्तकला, लुगट आनी कॉयर खात्यान काल 7 ऑगस्ट 2023 दिसा संस्कृती भवन, पाटो-पणजी हांगा गोंय माध्यमिक आनी उच्च माध्यमिक शिक्षण मंडळ आनी गृहविज्ञान महाविद्यालयाच्या सहकार्यान आयोजीत कार्यक्रमात राष्ट्रीय हातमाग दीस मनयलो.

कार्यक्रमाक माध्यमिक आनी उच्च माध्यमिक शिक्षण मंडळाचे सचीव श्री विद्यादत्त नाईक, गृहविज्ञान महाविद्यालयाचे प्राचार्य डॉ. महेश पै, कला आनी संस्कृती संचालनालयाचे उपसंचालक श्री अशोक परब, हस्तकला, लुगट आनी कॉयर खात्याचे संचालक श्री अरविंद बुगडे आनी सहाय्यक संचालक श्री सोहन उसकईकर उपस्थित आशिल्लें.

ह्या वेळार उलयताना श्री विद्यादत्त नाईक हांणी विद्यार्थ्यांनी नवीन कुशळटाय आत्मसात करून रोजगाराची संद मेळोवपाचो सल्लो दिलो

प्राचार्य डॉ. महेश पै हांणी हातमाग उत्पादनांच्या खरेदीक प्रोत्साहन दिवन "आत्मनिर्भर भारत" उपक्रम यशस्वी करपाक हातभार लावपाची गरज उक्तायली.

श्री अशोक परब हांणी "आत्मनिर्भर भारत, स्वयंपूर्ण गोंय" उपक्रमाचो एक भाग म्हूण प्रत्येक पंचायत वाठारांत हातमाग विणकाम अभ्यासक्रमांचे आयोजन करपाची गरज व्यकित करून हातमाग विणकाम पुर्ण केल्ल्या विद्यार्थ्यांचे अभिनंदन केले.

श्री अरविंद बुगडे हांणी भारतातल्या समृद्ध हातमाग आनी पारंपरिक वारशाचे जतन आनी संवर्धन करपाची गरज व्यक्त करून हातमाग विणकामाची प्रक्रिया आनी ताच्या विविध प्रकाराच्या उत्पादनांची म्हायती दिली.

कार्यक्रमात विणकाम अभ्यासक्रमाचे प्रशिक्षण पूर्ण केल्ल्या वेवसायिक शाखेतल्या (फॅशन डिझाइन आनी मार्किंग) विद्यार्थ्यांक प्रमाणपत्रांचे वाटप केले.

कार्यक्रमाचे सूत्रसंचालन श्रीमती रविनी डावरे आनी श्रीमती बेनेता रॉड्रिग्स हांणीकेले, जाल्यार श्रीमती अनिता महाले हांणी निमाणे उपकार मानले.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2023/616

--

-----------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.